# स्वातंत्र्य दिसानिमतान तरेकवार कार्यक्रमाचे आयोजन

ता. 10 ऑगस्ट 2017

19 श्रावण 1939

गोंय राज्यात 15 ऑगस्टाक स्वातंत्र्य दिस मनोवपाच्या तयारीक नेट आयिल्लो आसून राज्यात तरेकवार कार्यक्रमाचे आयोजन केला. राज्य पातळीवयलो मुख्य स्वातंत्र्य दिस सुवाळो पणजेच्या पोरण्या सचिवालयामुखार जातलो. सकाळी 9.15 वरांचेर जावपी स्वातंत्र्य दिस सुवाळ्यात मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर राष्ट्रीय तिरंगो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी जनतेक उद्देशून भाशण करतले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्याहस्तूकी वेगवेगळ्या मळावयल्या योगदानाखातीर पुरस्कार भेटयतले.

कार्यक्रमाक मंत्रीमंडळातले वांगडी, उपसभापती श्री. मायकल लोबो, विरोधी फुडारी श्री. चंद्रकांत कवळेकर, खासदार, आमदार, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, ॲडव्होकेट जनरल आनी हेर मानेस्त उपस्थीत रावतले.

राज्यात तालूका पावड्याचेर स्वातंत्र्य दिस कार्यक्रम जातले. जिल्होधिकारी, अतिरिक्त जिल्होधिकारी, उपजिल्होधिकारी आनी मामलेदार संबंदीत तालूक्यांनी राष्ट्रीय तिरंगो हुबयतले.

खेळा खात्यान पणजे सकाळी शाळांच्या भुरग्यांची प्रभात फेरी आयोजित केल्या. तशेंच मुख्य कार्यक्रम सोपले उपरांत सायकल आनी धावपाची सर्तय आयोजित केल्या.

स्वातंत्र्य दिस सुवाळ्यानिमतान राजभवन, पोरणे सचिवालय, लेखा संचालनालय, पर्वरीची नव्या सचिवालय इमारतीचेर रोषणाय करतले.

15 ऑगस्ट दिसा सांजवेळा 5.15 वरांचेर राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी राजभवनार येवकार सुवाळ्याचे आयोजन केला.

पत्रादेवीच्या हुतात्मा स्मारकाकडेन सकाळी 11.30 वरांचेर हुतात्म्यांक आर्गां ओपपाचा कार्यक्रम जातलो.